**माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप**

**७-८-२०१७**

माननीय सदस्य,

**१.** आता आमी ह्या अधिवेशनाच्या निमण्या पावण्याचेर आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप जाता . हें अधिवेशन १८ जुलय, २०१७, ह्या दिसा सुरू जाल्ले. एकूण १५ बैठको जाल्यो आनी तातून १२५ वरां आनी २५ मिं.च्या कालावधीन सभागृहान म्हत्वाचे आनी अर्थपूर्ण अशें कामकाज जाले.

२. प्रस्नकाल हो सभाघराच्या कामकाजाचो एक अत्यंत महत्वाचो भाग आसा, आनी त्याखातीर आमी महत्वपूर्ण मुद्द्यांचेर सभागृहान अर्थपूर्ण चर्चा करची आनी सभागृह सुरूळीतपणे चलोवपाचो आमचो यत्न आसपाक जाय.

३. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, ८३८ तारांकित आनी १,९०३ अतारांकित अश्यो वट्ट एकूण १,९३१ प्रश्नांखातीर सुचोवण्यो आयल्यो. ह्या अधिवेशनान, ७०% प्रश्न सदस्यांनी ऑनलायन धाडले. तातून ८१२ तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी ८५ तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्या ७२७ तारांकित आनी १,९०३ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभागृहाच्या पटलाचेर दवरल्यो.

४. स्थगन प्रस्तावांखातीर आयिल्या एका प्रस्तावाची सुचोवणी, स्थगन प्रस्तावांच्यां नियमांच्या कार्यकक्षेन नाशिल्ल्यान, तो प्रस्ताव न्हयकारलो.

५. मानादिक राज्यपालांच्या अभीभाषणांचो उपकार आठोवपी प्रस्ताव श्री. ग्लेन टिकलो हांणी मांडलो, जाका श्री. मिलिंद नाईक आनी श्री. राजेश पाटणेकर हांणी अनुमोदन दिले.

दिनांक. १८ आनी १९ जुलय, २०१७, दिसामेरेन, १९ दुरुस्त्या सयत आभारदर्शक प्रस्तावाचेर चर्चा जाली. ताच्या उपरांत माननीय मुख्यमंत्र्यांनी चर्चेक जाप दिली. ह्या प्रसातावाक सादर केल्ल्यो १९ दुरुस्त्यो सभागृहाच्या मतदानाक घालून त्यो दुरुस्त्यो सभागृहान न्हयकारल्यो.

उपरांत माननीय राज्यपालांच्या अभीभाषणांचेर उपकार आठोवपी प्रस्ताव, सभागृहान, दिनांक १९ जुलय, २०१७, ह्या दिसा संमत केलो.

**६.** कामकाज सल्लागार समितीचो पयलो अहवाल (२०१७) सभागृहा मुखार मांडलो आनी तो संमत केलो.

**७.** ह्या अधिवेशनान, १६ शोक निर्देशक सुचना, १ शोक प्रस्ताव आनी १९ अभिनंदनाचे प्रस्ताव आयले, ते सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान १७५ कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली. ३ लक्षवेधी सुचना आनी २४ शुन्यकाळाचे उल्लेख ह्या अधिवेशनान केले.

८. २० आनी २१ जुलय, २०१७, ह्या दिसा २०१७-२०१८, ह्या वर्साखातीर गोंय राज्याच्या अर्थसंकल्पाचेर सर्वसाधारण चर्चा जाली. त्या उपरांत माननीय मुख्यमंत्र्यान चर्चेक उत्तर दिले.

९. २०१७-२०१८ वर्साखातीरच्यो ८६ अनुदान मागण्यो आनी तांच्या खातीर आयिल्ल्यो १९५ कपात सुचोवण्यो सभागृहामुखार मांडल्यो. ११ दिस चलील्या चर्चे उपरांत १९५ कपात सुचोवण्यो मतदानाक घालून त्यो सभागृहान न्हयकारल्यो आनी अनुदानित मागण्यो मतदानाक घालून, संमत जाल्यो. ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग (क्र.२) विधेयक, २०१७, ह्या खातीरच्या अर्थसंकल्पा संदर्भातले विधेयक सभागृहान मांडून, विचारांत घेवन, सभागृहान संमत केले.

१०. अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१७-२०१८ (पयलो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन सभागृहान त्यो संमत केल्यो.  ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग (क्र.३) विधेयक, २०१७, मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केले.

११. सभागृहान संमत केल्ल्या ४ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्ल्याचे सभागृहाच्या निदर्शनाक हाडले. १6 सरकारी विधेयकां सभागृहा मुखार मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केली.1  विधेयक चिकित्सा समितीकडे धाडले गेले

१२. माननीय सदस्या कडल्यान १५ खाजगी प्रस्ताव आयले, सगळ्या प्रस्तावांचेर चर्चा जावन, मतदानाक घालून, सदस्यांनी सरकाराकडल्यान योग्य आश्वासना उपरांत सभागृहाची अनुमती घेवन ११ प्रस्ताव फाटी घेतले. २ प्रस्ताव सभागृहान एकमतान संमत केले, १ प्रस्ताव सभागृहाच्या मतदानाक

घालून न्हयकारलो आनी सभागृहांत एक सदस्य हजर नाशिल्लयान १ प्रस्ताव सादर जावंक ना.

१३. गोंय विधानसभेचे सदस्य म्हण गोंय शार आनी नगर नियोजन मंडळाचेर, श्री. ग्लेन सोझा टिकलो आनी श्री. फिलीप नेरी रोड्रीगीस, हांची नेमणूक जाली.

**१४.** २०१७-२०१८ वर्साखातीर वेगवेगळ्या समीतींचेर माननीय सदस्यांची नेमणूक जाली.

१५. हें सुरू आशिल्ले अधिवेशन पळोवपाची संद खूबश्या विद्यालयानी आनी महाविद्यालयानी घेतली. एकूण ३५ विद्यालया आनी महाविद्यालया हांगा आयील्ली. साधारण २,१६९ विद्यार्थी आनी २८५ अंदाजे शिक्षक/शिक्षिका आनी तांचे कर्मचारी हांगा येवन विधानसभेचे कामकाज पळोवंक शकले.

**१६.** हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे भोवमानेस्त मुखेलमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, माननीय विरोधी पक्ष नेते श्री. चंद्रकांत कवळेकर, आनी माननीय उप-सभापती श्री. मायकल लोबो, हांचो खूब मोठो मोलाचो वाटो आशिल्लो म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे मंत्री, वेगवेगळ्या पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे माननीय आमदार, सहकारी हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकांय धन्यवाद दिता.

१७. विधिमंडळाचे सचिव श्री.निळकंठ सुभेदार, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

१८. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी वर्तमानपत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले. राष्ट्रीय स्थरावयल्या पत्रकारानी आमकां सहकार्य दिले म्हणून सगळ्या पत्रकारांक हांव मनातल्यान धन्यवाद दिता.

१९. माका एक सूचना करपाची आसा की माननीय सभासदांनी सभाघरात मोबाइल फोन चो वापर करपाचो ना आणी सभाघराचो नियम पाळपाची गरज आसा.

२० माका सांगपाक खोस भोगता की विधानसभेच्या ह्या अधिवेशनात कागदाचो वापर उणो करून वट्ट एक कोटी पंचावन्न लाख सदुसट हजार सातशे पन्नास रुपये वाचयले. मानादिक सदस्यांनी अशेच सहकार्य करून सैम राखपाक मदत करची अशी आस्त बाळगीता.

२१ . आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

२२. हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

***************